PANAJI

NATIONAL NEWS

2nd MAY 2026,6.30PM

## एलपीजी वितरक

एलपीजी वितरक केंद्रांनी कसलोच ड्राय-आउट जावंक ना. घरांक एलपीजी सिलिंडरांची शंबर टक्के पुरवण सुनिश्चीत करता अशें सरकारान सांगलां. काल ऑनलायन एलपीजी सिलिंडर बुकींग 99 टक्क्यां मेरेन वाडल्या, जाल्यार ओटीपी आदारीत डिलिव्हरी 94 टक्क्यां परस चड जाल्या अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां.एलपीजीची साठेबाजी आणि काळो बाजार आळाबंदा हाडपा खातीर अंमलबजावणी कृतीचो एक भाग म्हूण काल देशभरांत 1700 परस चड धाडी घ्ल्यात. एप्रील म्हयन्यां सावन 22.78 लाखां वयर 5 किलो एफ टी एल सिलिंडर आनी दोन लाखां परस चड मेट्रीक टन वेपारी एलपीजी विकल्यात अशें मंत्रालयान सांगलां. तातूंत फुडें म्हायती दिल्या की सुमार 5.96 लाख पी एन जी जोडणी गॅसीकरण जाल्यात, आनी अंदूं मार्च म्हयन्यां सावन आनीक 2.68 लाख जोडणीं खातीर मुळावी बांदावळ तयार केल्या.

## समित्यांची पुनर्रचना

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला हानी २०२६- 27 वर्षाखातीर चार संसदीय समित्यांची पुनर्रचना केल्या . लोकसभेचे भाजप खासदार डॉ. संजय जयस्वाल हानची अंदाज समितीच्या अध्यक्षपदार केल्या., जातून लोकसभेचे ३० वागडी आसात . लोकसभेतले १५ आणि राज्यसभेतले सात वांगडयचो आस्पाव आशील्य्य भोव्षिक उपक्रम समितीचे अध्यक्षपद भाजप खासदार बैजयंत पांडा साम्बल्तले .श्री. बिरला हाणी लोकसभेतले काँग्रेस खासदार सी. सी. वेणुगोपाल हानची भोवषिक लेखा समितीच्या अध्यक्षपदर नेमणूक केल्या.हातून लोकसभेचे १५ आणि राज्यसभेचे ७ वागडी आसात . तर, अनुसूचित जाती आणि अनुसूचित जमातींच्या कल्याण समितीचे अध्यक्षपद लोकसभेतले भाजप खासदार फग्गन सिंग कुलस्ते भूषयतले .हातून लोकसभेचे २० आणि राज्यसभेचे १० वागडी आसात .. या समित्यांचो कार्यकाळ या महिन्याच्या १ तारखेपासून ते फुडल्या वर्षी ३० एप्रिलपर्यंत आसतलो

## कुमार त्रिपाठी

नौदलाचे मुखेली एडमिरल दिनेश कुमार त्रिपाठी आयच्यान चार दिसांच्या अधिकृत म्यानमाराच्या भेटीर आसात . एडमिरल त्रिपाठी आपल्या भेटी वेळार म्यानमाराचो मुखेल सेनापती जनरल ये विन ऊ, म्यानमाराचो संरक्षण मंत्री जनरल यू ह्तुन आंग आनी म्यानमार सशस्त्र दळाच्या हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन द्विपक्षीय चर्चा करतले अशी म्हायती संरक्षण मंत्रालयान दिल्या. ह्या संवादांतल्यान चालू आशिल्ल्या द्विपक्षीय दर्यावेल्या सहकार्याचो नियाळ जातलो, कार्यकारी पांवड्यावेले संबंद वाडटले आनी दोनूय नौदलां मदल्या सहकार्या खातीर नवे संधी सोदून काडटले.

## बंगाल

वेंचणूक आयोगान अस्तंत बंगालांत अतिरिक्त मतमेजणी निरिक्षक आनी पुलीस निरिक्षक नेमल्यात. मेजणी निरिक्षकांक मजत करपा खातीर वट्ट 165 अतिरिक्त मेजणी निरिक्षक नेमल्यात, जाल्यार सुरक्षा घटमूट करपा खातीर आनी मेजणी केंद्रां भोंवतणी कायदो आनी सुवेवस्था वेवस्थेचेर देखरेख दवरपा खातीर 77 पुलीस निरिक्षक नेमल्यात.मेजणी प्रक्रिया सुरक्षीत, शांतताय, भंयमुक्त आनी पारदर्शक पद्दतीन चलची हे खातीर हे उपाय केल्यात अशें आयोगान सांगलें.

## ब्रॉडकास्ट सिस्टीम

भारत सरकारान आपल्या नागरिकां खातीर तात्काळ आपत कालीन सादुरताय सेवा दिवपा खातीर देशी तंत्रज्ञान वापरून आपली सेल ब्रॉडकास्ट सिस्टीम सुरू केल्या. ताचो एक भाग म्हूण आयज दनपारां नागरिकांच्या मोबायल डिव्हायसाचेर सायरन अलर्ट आशिल्ली अधिसुचोवणी धाडून यंत्रणेची चांचणी केली. चाचणीदरम्यान प्रदर्शित झाल्या संदेशात म्हटला की - 'नागरिकांनो, सावध रावत राष्ट्र सुरक्षित दवरात' आणि हो एक चाचणी संदेश आशील्ल्यान , हो संदेश मेळल्याउपरांत नागरिकांनी कसलीच कृती करपाची गरज नाशिल्ली .

## डॉ. जितेंद्र सिंह

पृथ्वी विज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी आयज सांगला कि , मे महिन्यात अपेक्षित आशील्या उष्णतेच्या परिस्थितीविशी  भिवपाची गरज ना. नवी दिल्लीत माध्यमांक  मायती दिताना श्री. सिंह हाणी म्हटला कि , काय वाठारान  सामान्यपरस  चढ  तापमान आणि उष्णतेची लाट येऊ शकता , मत ही परिस्थिती देशभरात वेगवेगळी आसतली . वेळर  तयारी करून आणि  हवामान विभागान जारी केल्या सूचनांचे पालन करून परिस्थिती प्रभावीपणन  हाताळपा  येतली . मंत्री म्हणाले की, मे महिन्याच्या दुसऱ्या आणि चौथ्या सप्तकांच्या   तुळेन चढ  तापमान अपेक्षित आसा. जाका लागून  वायव्य, मध्य आणि पश्चिम भारताच्या काय  वाठरान तसेच पूर्व दर्यादेग वाठारान  उष्णतेची लाट येऊ शकता.

## खेळ

आय पी एल  क्रिकेट सर्तीत  चेन्नई सुपर किंग्स आणि मुंबई इंडियन्स ह्या पंगडा  मधी आयज चेन्नईतल्या  एम.ए. चिदंबरम मैदानाचेर  खेळ जातलो . हो  खेळ  सांजे  ७.३० वरांचेर सुरू जातलो.

## हवामान

हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत आसाम, मेघालय, सिक्किम, अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.